मोदी 50

आंतरराष्ट्रीय बायलां दिसा प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांणी देशांतल्या बायलांक नमन केला. वेगवेगळ्या येवजण्यो आनी कार्यावळी वरवीं बायलांक सशक्त करपा खातीर सरकारान सदांच वावर केला अशें सोशल मिडियाचेर केल्ल्या पोस्टांत मोदी हांणी सांगलें. आपणे आदीं उतर दिल्ल्या प्रमाण आयज आपली सोशल मिडियाची मालमत्ता वेगवेगळ्या मळार आपली सुवात निर्माण करपी बायलां ताब्यात घेतली अशें तांणी सांगलें.

मुर्मू 90

राष्ट्रपती द्रौपदी मुर्मू हांणी आंतरराष्ट्रीय बायलां दिसा सगळ्यांक परबीं दिली. सोशल मिडियाचेर केल्ल्या पोस्टांत राष्ट्रपतीन सांगलें, की हो दीस बायलांची कामगिरी आनी योगदाना खातीर मनयतात. देशाच्यो भयणी आनी धुवो शिमो हुंपतात आनी बायलांचो हक्क, समानताय आनी सक्षमीकरणाचे कारण बळकट करपा खातीर सरकार एकठांय यत्न करता अशें तांणी मुखार सांगलें. बायलांक तांच्या प्रवासांत आदार दिवचो आनी कोणूच फाटीं उरचो ना हाची खात्री करपाचें आवाहन मुर्मू हांणी केलें. दरेका नागरिकाच्या समान योगदानान बायलां आनी चलयो निर्भयपणान आपलीं सपनां पुराय करपाक शकतात असो लिंग समान संवसार तयार करूं येता अशें राष्ट्रपतीन स्पश्ट केलें.

उपराष्ट्रपती 80

आंतरराष्ट्रीय बायलां दिसा निमतान आयज उपराष्ट्रपती जगदीप धनखर हाणीय आपलीं शुभेच्छा दिली. बायलो समाजाच्या फाटीचो कणो, जी आपले लवचीकपण,

समर्पण आनी फुडारपणा वरवीं परिवर्तनकारी बदल घडोवन हाडटात अशें धनखड हांणी सोशल मिडियाचेर केल्ल्या पोस्टांत म्हणला. खऱ्या अर्थान सशक्त समाज तो आसत जे कडे  बायलो उदरगत आनी निर्णय घेवपाच्या मळार मुखार आसतात. बायलांच्या फुडारपणा खाला उदरगत ही विकसीत भारताची मुळावी गरज आसा अशें उपराष्ट्रपतीन मुखार म्हणला. बायलां खातीर समावेशक, समता, आनी प्रगतीशील फुडार तयार करपा खातीर सगळ्यांनी एकठांय येवन वावुरपाचो उलो धनखड हाणी  मारला.

नड्डा 100

नरेंद्र मोदी सरकार बायलांच्या फुडारपणा खाला उदरगतीचेर लक्ष केंद्रीत करता आनी बायलां सशक्तीकरणाच्या हेतान देशाक मुखार व्हरता अशें भाजपा अध्यक्ष जगत प्रकाश नड्डा हांणी सांगलां. आंतरराष्ट्रीय बायलां दिसा निमतान नवी दिल्लींत आयोजीत केल्ल्या कार्यावळींत उलयतना बायलांक सशक्त केल्यारूच संवसाराची उदरगत जावंक शकता अशें प्रधानमंत्री मानता अशें नड्डा हांणी सांगलें. हो हेत मतींत घेवन भाजपा सदांच बायलां सशक्तीकरण हें आपलें मुळावें तत्व म्हूण मुखार व्हरता अशें नड्डा हांणी सांगलें. दिल्ली विधानसभा वेंचणुके वेळार भाजपान दिल्लें वेंचणुकेचें उतर आशिल्ल्या महिला समृध्दी येवजणेक मान्यताय दिल्ल्या खातीर तांणी दिल्लीची मुख्यमंत्री रेखा गुप्ताचे उपकार मानले. आदल्या आप सरकारान शारांतल्या बायलांच्या कल्याणा खातीर कांयच करूंक नाशिल्ल्याचो आरोप तांणी केला.

रेल्वे 90

सेंट्रल रेल्वेन आयज आंतरराष्ट्रीय बायलांचो दीस अभिनव पद्दतीन मनयलो. सगळ्या बायलां खातीर. वंदे भारत एक्सप्रेस, 22223 क्रमांकाची रेल्वे, नामनेच्या छत्रपती शिवाजी महाराज टर्मिनसांतल्यान शिरडीक वचपाक भायर सरली, जातूंत

लोको पायलट, सहाय्यक लोको पायलट, रेल्वे वेवस्थापक, तिकीट परीक्षक आनी कॅटरिंग कर्मचारी सगळी बायल कर्मचारी आशिलली. तशेंच ही गाडी मुंबयच्या माटूगा स्टेशनां वेल्यानूय गेली, जे २०१७ पासून कार्यरत आशीलले भारतातले पयले पुराय पणान बायलां खातीर स्टेशन आसा, आनी लिमका बुक ऑफ रेकॉर्ड्सान ताची वळख जगाक दिल्या. प्रतिष्ठित वंदे भारत एक्सप्रेस वेळापत्रका प्रमाण शिर्डी पावली आनी हो बायलां सशक्तीकरणांतलो म्हत्वाचो मार्गदर्शक पावडो थारलो.

Nadda 180

फुडल्या पांच वर्सांत वैजकी शिक्षणांत 75 हजार नवी सुवाती जोडपाची सरकाराची येवजण आसा अशें केंद्रीय भलायकी मंत्री जे.पी नड्डा हांणी आयज जाहीर केलें. नवी दिल्लीच्या भारत मंडपांत जाल्ल्या आंतरराष्ट्रीय भलायकी तंत्रज्ञान मूल्यांकन परिसंवाद ISHTA 2025 च्या उक्तावण अधिवेशनांत ते उलयताले. तशेंच 2014 वर्सा सावन देशांतल्या वैजकी म्हाविद्यालयांची संख्या 101 टक्क्यांनी वाडल्या अशें ताणी नदरेक हाडलें. माध्यमीक आनी तृतीयक भलायकी सेवा घटमूट करपा खातीर 22 अखिल भारतीय वैजकी विज्ञान संस्थांचें उक्तावण केलां. पॅरामेडिक्स, नर्सी, आनी फ्रंटलायन कामगारांक प्रशिक्षण दिवन भलायकी क्षेत्राचो विस्तार करपाचेर सरकाराचें लक्ष केंद्रीत करपाचेर तांणी भर दिलो.

दरेका कुटुंबाक माध्यमीक आनी तृतीयक हॉस्पिटलांत दाखल जावपा खातीर वर्साक 5 लाख रुपया मेरेन फायदे दिवपी आयुष्मान भारत प्रधानमंत्री जन आरोग्य येवजणेच्या यशाचेर नड्डा हांणी भर दिलो. सुमार 61 कोटी लोकांक म्हणल्यार देशांतल्या 40 टक्के लोकांक हे येवजणेचो फायदो जाता अशें तांणी नदरेक हाडलें. तशेंच केंद्रीय अर्थसंकल्पांत 2025-26 वर्सा भलायकी आनी कुटुंब कल्याण मंत्रालयाक 998.6 अब्ज रुपया दिल्ले आसात, जी 2014-2015 वर्सा परस 191 टक्क्यांनी वाड जाल्या अशेंय नड्डा हांणी नदरेक हाडलें. भारतांत आनी आंतरराष्ट्रीय पांवड्यार

देशी तंत्रगिन्यानाची विस्वासपात्रताय वाडोवपा खातीर भलायकी तंत्रज्ञानाच्या मुल्यांकनाक चालना दिवपाचो उलो तांणी तज्ञ, नवनिर्माण करपी आनी संशोधकांक मारला.